## मंत्र्यांक खात्यांचें वांटप

पणजी, २५ सप्टेंबर, २०१८

आश्विन ३, १९४०

सोमारा जाल्ल्या मंत्रीमंडळ बदला उपरांत सकयल दिल्ले प्रमाण खात्यांचें वांटप जाला. मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकार - गृह, कार्मीक, अर्थ, दक्षता, सर्वसामान्य प्रशासन, श्री. रामकृष्ण उर्फ सुदिन ढवळीकर - भौशीक बांदकाम, येरादारी, न्हंय येरादारी, आनी वस्तूसंग्रहालय, श्री. विजय सरदेसाय - शार आनी नगर नियोजन, शेती, पुरातत्व आनी पुराभिलेख, कारखाने आनी बाश्पक, श्री. मनोहर आजगांवकर - पर्यटन, खेळ, छापणावळ आनी लेखन सामुग्री, श्री. रोहन खंवटे - महसूल, म्हायती तंत्रगिन्यान, मजूर आनी रोजगार, श्री. गोविंद गावडे - कला आनी संस्कृती, आदिवासी कल्याण, नागरी पुरवण आनी दर नियंत्रण, श्री. विनोद पालयेकर - उदकां स्त्रोत, नुस्तेंमारी, वजन-माप शास्त्र, श्री. जयेश साळगांवकर - घरबांदणी तशेंच घरबांदणी मंडळ, ग्रामीण उदरगत यंत्रणा आनी बंदर, श्री. माविन गुदिन्हो - पंचायत, पशू संवर्धन आनी पशू चिकित्सा सेवा आनी शिश्टाचार, श्री. विश्वजीत राणे - भलायकी, कारागीर प्रशिक्षण, बायलां आनी भुरगी उदरगत, श्री. मिलिंद नायक - शार उदरगत, समाज कल्याण आनी प्रोवेदोरिया आनी श्री. निलेश काब्राल - वीज, अ-पारंपारीक उर्जा, कायदो आनी न्यायपालिका आनी विधीमंडळ वेव्हार हांचे कडेन हीं खातीं आसात.

उरिल्लीं हेर खातीं मुख्यमंत्र्यां कडेन आसतलीं.

मा/वाप/टीएसएस/विगां/स्नेस/फ्रारि/२०१८/१५७८